**गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयांत अर्दवेळ एमई अभ्यासक्रमाखातीर प्रवेश**

ता. 27 सप्टेंबर 2022

गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयांत तीन वर्सांचो अर्दवेळ एमई (उद्देगीक अभियांत्रिकी) अभ्यासक्रम सुरू करपाचो आसा. ह्या कार्यक्रमाक नवी दिल्लीच्या अखिल भारतीय तांत्रिकी शिक्षण मंडळाची मान्यताय आसा आनी गोंय विद्यापिठाकडेन सलग्न आसा. हो एमई कार्यक्रम खास करून गोंय राज्यांत काम करपी अभियांत्रिकी वेवसायिकांखातीर आसा.

अभ्यासक्रम प्रवेशा खातीर अर्जदाराक दोन वर्सां कामाचो अणभव आसपाक जाय आनी खंयचोय अभियांत्रिकी पदवीधर आसपाक जाय. पद्व्युत्तर पदवी उमेदवार केंद्र अनुदानीत आयआयएससी, आयआयटी, एनआयटी सारख्यो संस्थां, केंद्र आनी राज्य विद्यापिठांनी पीएचडी प्रवेशाखातीर पात्र आसा.

अभ्यासक्रम प्रवेशा खातीर अर्ज करपाची निमाणी तारीख 30 सप्टेंबर 2022 आसा. प्रवेश अर्ज आनी नोंदणी खातीर www.gec.ac.in. ह्या व्हेबसायटीचेर भेट दिवची. चड म्हायती खातीर डॉ. सुरज राणे, प्रोफेसर आनी मुखेली, मॅकानीकल अभियांत्रिकी विभाग, गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालय, मो. नं. 9890202390 वा ssr@gec.ac.in चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/583

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji